# श्री. रवी नायक हांचे गिरायक हक्क जागृतीचे आवाहन

पणजीः 22 डिसेंबर 2023

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान वीज खात्याच्या सहकार्यान फोंडें आयोजीत केल्ल्या राष्ट्रीय गिरायक हक्क दीस ह्या कार्यावळीक नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार मंत्री श्री. रवी नायक हाजीर हे वेळार हाजीर आशिल्ले. "ई-कॉमर्स आनी डिजीटल वेपाराच्या युगांत गिरायक संरक्षण" ह्या विशयाचेर ही कार्यावळ आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयतना श्री. रवी नायक हाणें गिरायकांनी फसवणूकची कागाळ करपाचे म्हत्व सांगलें आनी बनावट उत्पादनांचो पर्यटकां मदीं राज्याचे प्रतिश्ठेचेर जावपी वायट परिणाम उत्काडार हाडलो. गिरायक हक्कांची राखण करूंक आनी नागरिकांची भलायकी निश्चीत करूंक केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या संयुक्त यत्नांची तांणें तोखणाय केली. लोकांची सर्वांगी उदरगत आनी वाड जावपा खातीर प्रामाणीक कर फारीक करपाचें म्हत्व तांणें फुडें सांगलें. तशेंच गिरायक जागृतायेची गरज आसा, खास करून फोर्टिफायड तांदूळ आनी प्लास्टीक तांदूळ वेगळें आसात आनी फोर्टिफायड तांदूळ भलायके खातीर बरे अशे श्री. नायक हांणें फुडें सांगलें.

नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार, सचीव, आयएएस, श्री. संजीत रॉड्रिगीज हांणें नागरिकांनी आपल्या हक्कांची जाणीव करून घेवची आनी ते हक्क पुराय जायना जाल्यार निवारणाच्या मार्गांचो वापर करचो अशें आवाहन केलें. ई-मार्केटींग आव्हानांक कशे तरेन तोंड दिवचें हें गिरायकांक कळपाची गरज आसा अशें सांगून तांणी फटवणूक वा फटींगपणाच्या वेगवेगळ्या घडणुकांचेर उजवाड घालो.

वीज खात्याचे अधिक्षक अभियंते श्री. शैलेश नायक बुर्ये; नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हाराचे उपसंचालक श्री. अमीत सावंत; कुर्टी खांडेपारची झेडपी श्रीमती प्रिया च्यारी; आनी कुर्टी खांडेपारची सरपंच श्रीमती संजना नायक ह्या वेळार हाजीर आशिल्ली.

"हक्क दाखोवप आनी उपाय समजून घेवप" ह्या विशयाचेर खाशेली सत्रां घेतलीं. ते भायर, गिरायक हक्क आनी संरक्षणाच्या वेगवेगळ्या पैलूंचेर वांटेकारांक शिक्षीत करपा खातीर माहितीपूर्ण स्टॉल उबारली.

श्रीमती पुर्वा प्रभू हिणें कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केलें, जाल्यार सहाय्यक लेखा अधिकारी श्री. सनी नार्वेकार हांणें उपकाराचें उलोवप केलें.

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.